VP Goa – 110

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर काल सावन तीन दिसांच्या गोय भेटेर आसात. गोंयचे राज्यपाल पी. एस.श्रीधरन पिल्लई आनी मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी काल दाबोळे विमानतळर उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर आनी ताची घरकान्न डॉ. सुदेश धनखर हांका येवकार दिलो. ह्या भेटी वेळार धनखर आज, मूरगांव बंदराक भेट दितले. थंय बंदराचे नवे प्रकल्प देशाक समर्पित करतले आनी बंदरप्राधिकरणाच्या वरिश्ठ अधिकारी आनी कर्मचाऱ्यां कडेन संवाद सादतले. बंदरात आशिल्ल्या भारतीय तटरक्षक दलाच्या जहाजावेल्या वरीष्ठ अधिकाऱ्यां बरोबरय उपराष्ट्रपती संवाद साधतले. फाल्या ते भारतीय कृषी संशोधन संस्थेच्या (आयसीएआर) - केंद्रिय किनारपट्टी कृषी संशोधन संस्थेक (सीसीएआरआय) भेट दितले आनी थंय ते प्राध्यापक आनी शास्त्रज्ञां बरोबर चर्चा करतले.

ते राजभवनाक भेट दितले. राज भवन परिसरात ते चरक आणि सुश्रुत हांच्या पुतळ्यांचें अनावरण करतले.

Khaunte – 120

पावसाच्या फुडल्या चार म्हयन्यात गोंयच्या मोन्सुन पर्यटनाकडे पर्यटकांक आर्कर्शित करपाखातीर काल पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी पर्यटन मळवेल्या जाळवणदारांकडे खासा बसका घेतली. विदेशी तशेंच देशी पर्यटकांक गोंयात मोन्सुनाक येवपाक कशे आर्कर्शित करप हाचेर ह्या वेळार चर्चा केली. ह्या बसकेके travel and tourism association of goa, airlines company, online travel accommodation agent, तशेंच पर्यटन मळावेल्या हेर जाळवणदारंचो आसपाव आशिल्लो. पर्यटकांखातीर खासा मोन्सुन पॅकेजीस तयार करपाचो निर्णय ह्यावेळार ह्या बसकेत जालो. ह्यावेळार जुलै म्हयन्यात रेस्टोरेंन्ट वीक मनवपाचो निर्णय जाला. हे शिवाय सांजाव, चिखलकालो तशेंच बोंदेरा ह्या गोंयच्या महोत्सवांक पर्यटनाच्या नदरेतल्यान आनीक व्हड माची दिवन पावसातले हे आगळे वेगळे आर्कर्शण करपाचो निर्णय जाला. त्या भायर गोवा मोन्सुनाचो खासा हॅशटॅग केम्पेन राबोवपाचो निर्णययय ह्यावेळार जाला अशी म्हायती टीटीएजीचे अद्यक्ष जॅक सुखीजा हांणी ह्यावेळार उलयतना दिल्या.

NCPOR –70

केंद्रीय भूविज्ञान आणि विज्ञान आणि तंत्रज्ञान राज्यमंत्री डॉ.जितेंद्र सिंग फाल्या वास्को-दा-गामा शारांत राष्ट्रीय ध्रुवीय आणि महासागर संशोधन केंद्र (एनसीपीओआर) हांगा ध्रुवीय भवन आनी सागर भवन ह्या दोन नव्यान बांदिल्ल्या अत्याधुनीक प्रयोगशाळा सुविधांचें उक्तावण करतले. भारत सरकाराच्या पृथ्वी विज्ञान मंत्रालयाच्या अंतर्गत एनसीपीओआर ही स्वायत्त संस्था अंदूं रुप्या महोत्सव मनयता. ध्रुवीय आनी दर्या संशोधनाची भारताची नोडल एजन्सी म्हूण एनसीपीओआर अंटार्क्टिका, आर्क्टिक, दक्षिण म्हासागर आनी हिमालयांत शास्त्रीय मोहीम घडोवन हाडपाक मुखेल भुमिका साकारता.

Pre Monsoon – 125

गोंयांत काल वारो , गडगड आनी जोगला मारून घोग्यांनी पावस पडलो. अचानक पडील्लया पावसाक लागुन लोकजीण विस्कळीत जाली. म्हापश्या मार्केट, पणजे शार, म्हापसा गिरी वाटारांत रस्त्यार उदक भरले. बऱ्याच वाठारानि काल बरोच वेळ वीज पुरवण खंडीत जाली. काय वाठारांनी झाडा पडील्याच्यो घडणुको घडल्यात,जाल्यार काय रस्त्याचेरं काल येरादारीची कोंयडी पळोवपाक मेळ्ळी. इतलेमजगती काल पणजे वेधशाळेन हवामानाच्या अदमासाप्रमाण पावसा खातीर आज मेरेन orange alert जरी केला.

वेधशाळेकडल्यान मेळिल्या म्हायतीप्रमाण पेडण्या सगळ्यात चड 161 मीली मीटर, जाल्यार पणजे उपरांत म्हापसा, 157 मीली मीटर, पणजी 81मीली मीटर, मुरगांव 75मीली मीटर, वाळपय 43मीली मीटर, सांगे 42मीली मीटर , केपे 40 मीली मीटर जाल्यार फोण्या 30 मीली मीटर पावस पडील्लयाची नोंद पणजे वेधशाळेकडे जाल्या.

इतलेमजगती हुवार येवपी सुवातीनी वा उदक साचपी वाठारात लोकांनी वच्चे न्ही अशी शिटकावणी आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणेंन गोंयकारांक दिल्या.